**Akashvani Panaji Regional news 7.25 am 12th October 2025**

आयच्या काळांत चलो आनी चली हातूंत फरक ना. समाजांत चलयां विशींचे गैरसमज पयस जावपाक जाय.  सामाजीक विचार बदलपा खातीर सगल्यांनी यत्न करपाची गरज आसा, अशें बायलां आनी बाल कल्याण मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणले. संसारिक चलयो दिसा निमतान शेनवारा गोंय वैजकी महाविद्यालयात आयोजीत केल्ले कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार खात्याची संचालिका ज्योती देसाय, सचीव अरुण कुमार मिश्रा आनी अधीक्षक डॉ. राजेश पाटील हाजीर आशिल्ले.शिक्षण, करियरा खातीर चलयांक तेंको दिवपाक जाय. आयज चलयो चल्यां वांगडाच दरेका मळार मुखार आसात. 'चली शिकली जाल्यार पुराय कुटुंबाची उदरगत जाता' हाची जायतीं उदाहरणां समाजांत आसात, अशें मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुरू केल्ल्या 'बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ' मोहिमेचो देशभरांत बरो परिणाम दिसून येता. सामान्य मनीस लेगीत समाजा खातीर काम करूंक शकता. चलयो आनी बायलां विशीं वायट भावना दवरचे नात अशी प्रतिज्ञा सगळ्यांनी करपाक जाय अशें मंत्री राणे हांणी सांगलें. byte

---

\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-\-

---

शेतकारांच्या फायद्याखातीर ह्या आदी सुरु केल्ल्यो ३६ येवजणो एकठांय करुन नव्यान तयार केल्ली पंतप्रधान धन धान्य कृषी येवजण आयज मडगांवां सुरु केली. दक्षिण गोंयांत हे येवजणेची सुरुवात भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांच्या हस्तुकी जाली. भारताक शेतीप्रधान देश करपाची मा ेख प्रधानमंत्री नरेंद्र

मा ेदी हांणी दोळ्यासामकार  दवरुन ही येवजण देशात हाडल्या. गोंयच्या शेतकारांकय हे येवजणेचो मोटो फायदो जातलो अशें कामत हांणी सांगलें.ही येवजण लागू करपाखातीर देशांतले १०० जिल्हे वेंचून काडल्यात तातूंत दक्षिण गोंय जिल्ह्याचोय आस्पाव आसा. शेतकी उत्पादकता वाडोवन आनी शेतकारांचे उत्पन्न वाडोवप ही मोख ताच्या फाटल्यान आसा. प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधी, प्रधानमंत्री फसल बिमा या ेजना आनी प्रधानमंत्री कृषी संचन या ेजना ह्या तीन मुखेल योजनांसयत एकूण ११ खात्यांतल्या े ३६ येवजणो एकठांय करुन ही नवी येवजण फुडें हाडल्या. २०३१ मेरेन ही येवजण चालीक लावपाखातीर वट्ट १४४ लाख कोटी रुपयांची केंद्र सरकारान तजवीज केल्या. देशाक शेतकीमळार आत्मनिर्भर करपाखातीर आनी भारत हो शेतीप्रधान देश करपाखातीर केंद्र सरकार उतरान बांदिल्ला े आसा आनी त्याखातीर ही येवजण फुडें हाडल्या. सर्वसामान्य शेतकारांवांगडाच शेतकी मळार बायलांनीय फुडें येवचे हे खातीर हे येवजणेत तजवीजो केल्यात अशें तांणी सांगलें.ह्यावेळार गोंय सरकारचे शेतकी संचालक संदीप फळदेसाय हे येवजणेचे संयोजक शिवराम गावकार आनी रघुनाथ मोरजकार हांणी शेतकारांक निसर्गिक शेतांचेर जाल्यार डॉ. ऋषिकेश पवार हांणी नुस्तेमारी शेतीचेर मार्गदर्शन केले. ह्या मेळाव्याक बायलां शेतकारांचो आस्पाव मोट्या प्रमाणात आसला े. दक्षिण गोंयच्यो उपजिल्होधिकारी शर्मिला गांवकार ह्योय ह्यावेळार हाजीर आशिल्ल्यो

---

---------------------------

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

---

----------------------------

श्री देव रुद्रेश्वर देवस्थान हरवळे साखळी आनी श्री रुद्रेश्वर रथोत्सव समिती गोवा हांचेवतीन फाल्यां आयतार 12 ओक्टोबर दीस हरवळें हांगासर दनपारां 3 वरांचेर भंडारी समाजाचे जिल्हा पंचायत सदस्य, नगरसेवक तशेच पंच वांगड्यांचो सत्कार जातलो.या सुवाळ्याक केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री खासदार श्रीपाद नाईक मुखेल सोयरे या नात्यान हजर आसतले. त्यांच्या वांगडा शेतकीमंत्री रवी नाईक ,भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नाईक, काँग्रेसचे गिरीश चोडणकर, आम आदमी पार्टीचे प्रदेशाध्यक्ष अमित पालेकर ,शिवसेनेचे अध्यक्ष उपेंद्र गावकर आनी श्री रुद्रेश्वर देवस्थान समितीचे अध्यक्ष यशवंत माडकर हजर आसतले.

---

----------------------------

साश्ट तालुक्यात आस्पावपी सां जुझे द आरियल पंचायतीच्यो सरपंच कार्मिन फर्नांडीस आनी उप सरपंच पिएदाद कार्दोज हांचे आड दाखल केल्लो अविस्वास थाराव 6 आड 0 मतांनी संमत जालो.

---

----------------------------

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 32 अंश  celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 अंश  celcius इतले आसतले.

---

शटलरस क्लब आनी मॉर्निंग बॅडमिंटन क्लब हांचा वरवी १७ आनी १८ ऑक्टोबराक वरिष्ठ दादले आनी बायला पंगडातले राज्य मानांकन बॅडमिंटन सरत campal पणजे हांगाच्या indoor स्टेडिअमर जातली

-----------------------------